**नागरी सेवा कबड्डी खेळां पंगड निवड चाचणी**

ता. 25 सप्टेंबर 2023

केंद्रीय नागरी सेवा सांस्कृतीक आनी खेळां मंडळ आनी दिल्ली सरकार हांच्या जोड पालवान थ्यागराज खेळां स्टेडिएम, थ्यागराज नगर, नवी दिल्ली हांगां 4 ते 7 ऑक्टोबर 2023 मेरेन कबड्डी खेळां प्रकारात अखिल भारत नागरी सेवा सर्तींचे आयोजन करपात येतले.

ह्या खेळां सर्तींनी गोंय राज्याचे प्रतिनिधीत्व करपाक पंगड निवडपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार खात्यान ता. 27 सप्टेंबर 2023 दिसा मल्टिपर्पज कॉलेज हॉल, बोर्डा मडगांव हांगा कबड्डी निवड चाचणी आयोजीत केल्या.

सरकारी खात्यांचे नियमीत कर्मचारी आशिल्ल्या इत्सुक खेळगड्यांनी खात्याच्या मुखेल्यान सय केल्ले वळखपत्र आनी खेळपाच्या सामानासयत सकाळी 9.00 वरांचेर निवड चाचणेच्या थळार एपीईओ श्री. मोतिलाल गांवकर (9890968365/8999228032), टीएसओ मंथन आडपईकर (904972221/8080027034) हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/739

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.